Regional News 11th January 2025. 7.20 p.m.

पक्षी महोत्सव

रान खात्यान 17 ते 19 जानेवारी ह्या काळांत काणकोण म्हालांतल्या खोतीगांव रानवटी जीव अभयारण्यांत 8व्या गोंय पक्षी महोत्सवाचें आयोजन केलां. तीना दिसांच्या महोत्सवांत सुकणीं मोगीआनी रानवटी जीव जाणकारांक गोंयच्या समृद्ध अशा सुकण्यांचे जिणेचो अभ्यासा करपाची संद मेळटली. तशेंच सुकण्यांचे जातींचो सांबाळ, रानवटी जीव फोटोग्राफी, पक्षी पर्यटन, सुकण्यांची जीण आनी सुकण्यांचें शास्त्र अशा विशयांचेर महोत्सवांत भर दितले.

महोत्सवाचो उक्तावण सुवाळो 17 जानेवारीक इंटरनॅशनल सेंटरा गोंय, दोनापावला जातलो. राना खात्याचे मंत्री विश्वजीत राणे हांचे हस्तुकीं, गोंय राना विकास म्हामंडळाचे अध्यक्ष आनी मुखेल सचिवांचे हाजेरेंत महोत्सवाचें उक्तावणा जातलें. ह्यावेळार गोंयच्या सुकण्यांचें जाती वयल्या दोन पुस्तकांचें विमोचन जातलें. तशेंच गोंयच्या रानवटी जीव अभयारण्यांच्या मॅस्कॉटाचें अनावरणा जातलें. महोत्सवानिमतान सुकण्यांचे जिणेचेर सुकणे तज्ञांचीं व्याख्यानां आनी चर्चासत्रां जातलीं. उत्तराखंड राना विभागाचे मुखेल रान संरक्षक आनी सुकणें तज्ञ डॉ. धनंजय मोहन, सुकणीं फोटोग्राफर इंद्रजीत घोरपडे, सुकणीं तज्ञ डॉ.

प्रणया वैद्य, पर्यावरण तज्ञ डॉ. मधुरा निफाडकर, सुकर्णी तज्ञ निरवा भट हांचीं व्याख्यानां आनी चर्चासत्रां जातलीं.

ह्या महोत्सवांत वांटेकारा जावपाक नोंदणी करपाखातीर https://birdfestival.goa.gov.in हे वेबसायटीक भेट दिवची. नोंदणी 14 जानेवारीक बंद जातली. नोंदणी शुल्क 3500 रुपया जाल्यारा विद्यार्थ्यांखातीर 1000 रुपया आसा.

***

नुस्तें महोत्सव

आमी सगल्यांनी सैमीक साधन संपत्तीची योग्य पद्धतीन राखण करची पडटली असो उलो मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी मारला. ॲक्वा गोवा नुस्तें महोत्सवाच्या आठव्या आवृत्तीचे उक्तावण करतकच ते उलयताले. काल सांजे कांपाल मैदानाचेर ह्या तीन दिसांच्या नुस्तें महोत्सवाचे उक्तावण जालें. नुस्तेकारांक लेगीत किसान क्रेडीट कार्ड मेळोवन दिवपाक केंद्र सरकारान सकारात्मक पावलां उखलली आनी तांका ही सुविधा फावो केली अशें मुखेलमंत्र्यांन सांगलें. नुस्तेमारी मंत्री निळकंठ हळर्णकर तशेंच ह्या उक्तावण सुवाळ्याक खासा उपस्थित आशिल्ली मराठी अभिनेत्री मृण्मयी देशपांडे हांचीय ह्या वेळार उलोवप जाले. आमदार उल्हास तुयेंकार , डिलायला लोबो , कृष्णा साळकार

आनी रुडोल्फ फर्नांडीस हें नुस्तें महोत्सवाच्या उक्तावण दबाज्याक हाजीर आशिल्ले.

मांडवी नुस्तें पणन सहकारी संस्था , ट्री फांवडेशन ही आप वावुरपी संघटणा आनी कायतान फर्नांडीस हांचो तांच्या बऱ्या वावराखातीर मुखेलमंत्र्यांच्या हस्तुकी भोवमान जालो. नुस्तेंमारी खात्याच्यो संचालक यशस्विनी बी. हांणी येवकाराचे उलोवप केले. फाल्या सांजे ८व्या नुस्तें महोत्सवाचो समारोप जातलो.

***

कोंकणी श्रीराम गीता

गोंय कोंकणी अकादमी, राजभास संचालनालया आनी रविंद्र भवन सांखळी हांच्या जोडपालवान सांखळेच्या रविंद्र भवनांत आयज कोंकणी श्रीराम गीता कार्यावळा जातली. डॉ. मनोहरराय सरदेसाया हांची वाल्मीकी रामायणावेली स्वतंत्र कोंकणी काव्य रचनेचेरा आदारिल्ली ही कार्यावळ स्वरश्री गोवा हे संस्थेची निर्मिती आसा. वडील संगीतकार रामानंद रायकार हांणी संगीत दिल्ल्या ह्या कार्यावळीक मुखेल सोयरे म्हण मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाजीर आसतले. तांचेवांगडा शास्त्रीय गायक पं. रघुनाथा फडके, गोंया कोंकणी अकादमीचे अध्यक्ष वसंत सावंत, रविंद्र भवन सांखळीचे उपाध्यक्ष दत्ताराम चिमुलकार, कोंकणीसेवा

केंद्र –सांखळीचे अध्यक्ष राजन शेट्ये, उद्देजक सुनील सरदेसाय आनी हिरेश मावजो हाजीर आसतले.

***

## युवा मराठी साहित्य संमेलन

गोवा मराठी अकादमी दिवचला प्रभाग आनी दिवचलचें श्री शांतादुर्गा हायर सेकंडरी विद्यालय हांच्या जोडपालवान फाल्यां 12 जानेवारी दिसा युवा मराठी साहित्य संमेलनाचें आयोजन केलां. दिवचलच्या दीनदयाळ सभाघरांत सकाळीं 9 वरांचेरा जावपी उक्तावणा सुवाळ्याक साहित्यिक राजेंद्र केरकार मुखेला सोयरे म्हणा हजर आसतले. तांचेवांगडा विद्यावर्धक मंडळाचे अध्यक्षा विजय सरदेसाय, प्राचार्य अनिता आगरवाडेकारा हजर आसतली.

***

## वेद विज्ञानम

सांखळेच्या हेडगेवार विद्यालयांत फाल्यां 12 जानेवारी दिसा देशाचे विज्ञानिक दायजाचेर आदारिल्ली 'वेद विज्ञानम' ही कार्यावळ आयोजित केल्या. सांखळेच्या रविंद्र भवनांत सांजे 5 वरांचेर जावपी ह्या कार्यावळिच्या उक्तावण सुवाळ्याक मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत मुखेल सोयरे म्हण हजर आसतले. तांचेवांगडा खाशेले सोयरे म्हण मयें

मतदार संघाचे आमदार प्रेमेंद्र शेट, हेडगेवार शिक्षणासंस्थेचे सचिव सुभाष देसाय हजर आसतले.

***

बालोद्यान दिवचल

दिवचलच्या जोगीवाडी हे सुवातेर राज्य उदरगत मंडळावरवीं उबारपांत येवपी बालोद्यान केंद्राचें काम पुराय जालां. ह्या केंद्राचो बेगीनच लोकार्पण सुवाळो जातलो. अशी म्हायती दिवचलचे आमदार चंद्रकांत शेट्ये हांणी दिली. जोगीवाडी वाठारांत रोटरी सभाघरालागीं हो प्रकल्पा उबो जाता. ताची पळोवणी केलेउपरांत आमदार शेट्ये उलयताले. ह्यावेळार तांचेवांगडा उपनगराध्यक्ष दीपा पळ, नगरसेविका अपर्णा फोगेरी, अनिकेत चणेकार, हजर आसले. सुडाचे वतीन सुमार दोन कोटी रुपया खर्चा करुन हो बालोद्यान प्रकल्प उबो जाल्ल्यान लोकांची बरेतरेन मनरिजवण जातली, अशें आमदार शेट्ये हांणी सांगलें.

***

RIMC – Dehradun

राष्ट्रीय भारत लश्करी महाविद्यालय (आरआयएमसी) देहरादून हांणी खंयचेय मान्यताय प्राप्त शाळेंत सातव्या वर्गांत शिकपी विद्यार्थ्यांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. अर्ज करपी विद्यार्थी 11 ते 13 वर्सां पिरायेच्या गटांत आसपाक जाय.

म्हाविद्यालयाचें म्हायती पत्रकासयत अर्ज आनी पोरण्या प्रस्नपत्रिकांची पुस्तिका आरआयएमसी संकेतथळार www.rimc.gov.in चेर ऑनलायन फारीकणी करून मेळटली. राज्य सरकारांनी अर्ज स्वीकारपाची निमाणी तारीक 31 मार्च 2025 आसा

***

## संरक्षित स्मारकां

पुरातत्व खात्यान राज्यांतल्या आनीक सा स्मारक आनी पुरातत्व नदरेन म्हत्वाच्या थळांक संरक्षिता स्मारकांचो दर्जो दिला. हाकां लागून राज्यांतल्या संरक्षित स्मारकांची संख्या आतां 57 जाल्या. सद्या संरक्षित केल्ल्या थळांत म्हाऊसा सत्तरी गावांतलीं प्रस्तर शिल्पां, केपें तालुक्यांतलो बेतुला किल्लो, बड्डे खोतीगांव गावांतलें फातरावेलें कोरीव काम, काणकोण खोलांतलें सोळिये मंदिर, श्री वार्जेश्वर मंदिराची तांकी आनी सत्तरी तालुक्यांतलें श्री दिपाजी राणे हांचें घर ह्या थळांचो आस्पाव आसा.

***

## नुस्तेमारी म्हाविद्यालय

गोंयांत नुस्तेमारी म्हाविद्यालय स्थापन करपाचे सरकाराचे यत्न आसा. ब्लू इकोनॉमीक उर्बा दिवन रोजगार तयार करपा सयत नुस्त्याच्या वाठारांत गोंय स्वयंपूर्ण जावपाक जाय, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

पणजेत अॅक्वा गोवा नुस्तेमारी महोत्सवाचें उक्तावण जालें. ह्या वेळार ते उलयताले. कार्यावळीक नुस्तेमारी खात्याचे मंत्री नीळकंठ हळर्णकार, आमदार कृष्णा साळकार, आमदार रूडाॆल्फ फर्नांडीस आनी अधिकारी हाजीर आशिल्ले.

गोंयच्यो दर्यादेगो ह्यो पुराय संवसारात फामाद आसात. दर्या पळोवपा खातीर पर्यटक गोंयांत येतात. नुस्तेमारी सयत दर्याचो चडांत चड वापर जावपाक जाय. हातूंतल्यान रोजगार निर्माण जावप शक्य आसा. ब्लू इकोनॉमीक उर्बा दिवपा खातीर सरकारान तरेकवार येवजण्यो सुरू केल्यात.

हाचो लाव नुस्तेमाऱ्यांनी घेवपाक जाय. दर्या आनी उदकाचे स्रोत नितळ दवरपाची सगल्यांची जापसालदारकी आसा. नुस्तेमारीचे तंत्रज्ञान तशेंच तरेकवार प्रकारचे नुस्तें पळोपाची संद ह्या महोत्सवांत मेळटा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

महोत्सवांत नुस्त्याच्या स्टॉला सयत तरेकवार सांस्कृतीक कार्यावळींचे आयोजन केलां.

***

आदिवासी विद्यार्थी

आदिवासी कल्याण खात्या वतीन अनुसूचीत जमातींतल्या (एसटी) विद्यार्थ्यांक अर्थीक मजत दिवपा खातीर गगन भरारी शिक्षा येवजण चालीक लायतात. हे येवजणेचो लाव घेवपा खातीर खात्यान अनुसूचीत जमातींतल्या विद्यार्थ्यां कडल्यान १५ जानेवारी २०२५ मेरेन ऑनलायन अर्ज मागयल्यात.

हे येवजणे खाला अनुसूचीत जमातींतल्या विद्यार्थ्यांक जेवण आनी प्रवास खर्चा खातीर अतिरिक्त अर्थीक मजत दितात. तशेंच अनुसूचीत जमातींतल्या दिव्यांग विद्यार्थ्यांक खर्चा खातीर अतिरिक्त अर्थीक मजत दितात. गोंय राज्यांतल्या अनुसूचीत जमाती समाजांतले विद्यार्थी, जांच्या कुटुंबाची वर्सुकी येणावळ पांच लाख रूपया (रु. ५,००,०००/-) परस चड ना आनी मान्यताप्राप्त संस्थेंत मॅट्रीक उपरांतच्या अभ्यासक्रमांत शिकतात, अशें विद्यार्थी हे येवजणेचो लाव घेवपाक पात्र आसात. तशेंच विद्यार्थी नेमान आनी पुराय वेळ विद्यार्थी आसपाक जाय.

येवजणे खातीरची पात्रताय, नेम, अटी आनी हेर म्हायती https://tribalwelfare.goa.gov.in/ चेर उपलब्ध आसा. विद्यार्थ्यांनी https://cmscholarship.goa.gov.in ह्या मुख्यमंत्री शिश्यवृत्ती पोर्टला वयल्यान अर्ज करचे. अर्ज धाडपाची निमाणी तारीख १५ जानेवारी आसा.

***